# मुख्यमंत्र्यां हस्तुकीं विज्ञान फिल्म महोत्सवाचे उक्तावण

पणजी: 17 मार्च 2021

दोन दिसांच्या भारतीय विज्ञान फिल्म महोत्सवाक आयज राज्यांत सुरवात जाली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ईएसजीचे उपाध्यक्ष आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत पणजे आयनॉक्सात महोत्सवाचे उक्तावण जाले.

विज्ञान भारती, गोंय हांणी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खाते, ईएसजी, आयसीसीएआर, एनआयओ, गोंय विद्यापीठ आनी हेर संस्थांच्या सहकार्यान भारतीय विज्ञान फिल्म महोत्सवाचे आयोजन केला. व्याख्यानां, चर्चासत्रां, प्रदर्शन, फिल्म मेकिंग मास्टर क्लास अशें वेगळे वेगळे उपक्रम आयोजीत करून दोन दिसांचो महोत्सव साजरो करतले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान राज्यांत संशोधन कार्यक्रमांक सरकार प्रोत्साहन दिता म्हणपाचे सांगून ज्या विद्यार्थ्यांनी ह्या फिल्म महोत्सवात भाग घेतला तांणी घरा वचून विज्ञान आनी वैज्ञानिक विचारांच्या महत्त्वाविशीं प्रसार करपाक सांगले.

समाजात विज्ञान, नाविन्यपूर्ण विचारसरणी आनी वैज्ञानिक संशोधनाविशीं रूची वाडोवपाची गरज उक्तावन मुख्यमंत्र्यान युवकांनी आता काळाची गरज वळखून संशोधन क्षेत्रात पावल दवरपाचो उलो मारलो.

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खात्याचे संचालक श्री. लेव्हिन्सन मार्टिन्स हांणी आपल्या उलोवपात भुरग्यांमदी रुची वाडोवपाच्या उद्देशान हो उत्सव फाटल्या पाच वर्सांसावन आयोजीत करपात येता म्हणपाचे सांगले. विद्यार्थ्यांमदी वैज्ञानीक समज वाडोवप हे ह्या महोत्सवाचे मुखेल उद्दीश्ट आसा. गोंयांक विज्ञान केंद्र करपाच्या दृष्टीन सरकारान वेगवेगळी पावलां मारल्यात, अशें तांणी सांगले. उचलली आहेत. विज्ञान आनी तंत्रज्ञान विभागावतीन संशोधनाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर शाळा आनी महाविद्यालयांनी व्याख्यानां, कार्यशाळा आयोजीत करपाचो विचार आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले.

ईएसजी चे उपाध्यक्ष श्री सुभाष फळदेसाय, आयसीसीएआरचे संचालक डॉ. ई. चाकुरकर, एनआयओ चे संचालक डॉ. सुनीलकुमार सिंग, विज्ञान प्रसार, दिल्ली चे श्री निमिश कुमार, एससीआय-एफएफआयचे आश्रयदाते श्री शेखर देसाई, विज्ञान विद्यार्थी, शिक्षक, वैज्ञानिक आनी हेर कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

विज्ञान भारती, गोंयचे अध्यक्ष प्रो.सुहास गोडसे हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/319

--

Issued by Department of Information & Publicity